राजश्री कामत राष्ट्रीय खबरो २१.०५.२०२६ @ ८.४० am

पांच राश्ट्रांच्या अधिकृत भोंवडेचो निमाणो पांवडो इटलींतल्यान येसस्वीपणान पुराय करून प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी नवी दिल्लीक परतले.

अस्तंत बंगालांत आयज दक्षिण 24 परगना जिल्ह्यांतल्या 'फाल्टा' विधानसभा मतदारसंघांत फेरमतदान जाता

केंद्रीय रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी हांणी काल नवी दिल्लींत जाल्ले उंचेल्या पांवड्यावेले बसकेंत आसामांतल्या राष्ट्रीय म्हामार्ग प्रकल्पांच्या दर्ज्याची आनी देखरेखीच्या प्रगतीचो नियाळ घेतलो

आयपीएल क्रिकेटत गुजरात टायटन्स आनी चेन्नई सुपर किंग्स हांचे मदीं अहमदाबादच्या नरेंद्र मोदी स्टेडियमार सांजवेळा 7:30 वरांचेर खेळ जातलो.

Modi

पांच राश्ट्रांच्या अधिकृत भोंवडेचो निमाणो पांवडो इटलींतल्यान येसस्वीपणान पुराय करून प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी नवी दिल्लीक परतले. भारत आणि इटलीन द्विपक्षीय संबंधांक विशेष सामरिक भागीदारीचो दरजो दिला; दोन्ही वटांनी १५ कबलातीचेर सय केली. प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदींच्या इटली दौऱ्यान द्विपक्षीय संबंधांक व्हड चालना मेळल्या, भारत आणि इटलीन वेगवेगळ्या क्षेत्रांतल्या १५ क बलातींक अंतिम स्वरूप दिला.रोमात प्रधान मंत्री मोदी आणि त्यांच्या इटालियन सम पदस्थ जॉर्जिया मेलोनी मदी शिष्टमंडळ स्तरार जाल्या चर्चे उपरांत या कबलातीचेर सय केली. कृषी, महत्त्वपूर्ण खनिजां, आयुर्वेद, विज्ञान आणि तंत्रज्ञान, सागरी येरादारी आणि बंदर या क्षेत्रांमदी सहकार्य अधिक घटट करपाक दोन्ही देशांनी खुपशा समजीकायेच्या

कबलातींचेर सय केली. भारतीय परिचारिकांक इटलीत यो वच करपाक मदत करपाक एका कबलातीर सय जाली, जाका लागुन कुशल भलायकी सेवा व्यावसायिकां खातीर नवीन संधी निर्माण जाल्यात. आनीक एक महत्त्वाची कबलात लोथल हांगा राष्ट्रीय दर्या दायज  संकुलाच्या विकासार लक्ष केंद्रित करता, जो सांस्कृतिक आणि दर्या दायज क्षेत्रात वाढत्या सहकार्याचे प्रतीक आसा. भारत आणि इटलीन कराविशीचे गुन्याव, मनी लाँडरिंग आणि दहशतवादी वित्तपुरवण हाचे आड समन्वय अधिक मजबूत करपाचेरय सहमती दर्शयली.

इटलीची प्रधान मंत्री जॉर्जिया मेलोनी हाणी म्हणले की, ही विशेष सामरिक भागीदारी परस्पर विश्वास आणि सामायिक मूल्यांर आधारित भारत-इटली संबंधांची वाढती सखोलता दर्शयता. सांस्कृतीक आदान-प्रदान आनी दोनूय पुर्विल्ल्या संस्कृताये मदीं संवाद खोलायेन वाडोवपा खातीर भारत आनी इटली 2027 हे वर्स ‘संस्कृती आनी पर्यटन वर्स’ म्हणून मनयतले. ह्या उपक्रमाक लागून दोनूय देशां मदीं परस्पर समजूत वाडोवपाक आनी सांस्कृतीक-राजकी संबंद आनीक घटमूट करपाक मदत जातली अशें इटालिची प्रधानमंत्री मेलोनी हांणी सांगलें.

प्रधान

केंद्रीय शिक्षण मंत्री धर्मेंद्र प्रधान हांणी काल मेटा, गूगल, टेलिग्राम ह्या मुखेल सोशल मिडिया प्लॅटफॉर्मांच्या प्रतिनिधीं कडे बसका घेतली. स्पर्धात्मक परिक्षे संबंदीत चुकीची म्हायती वाडत आशिल्ल्यान खास करून टेलिग्राम चॅनल आनी निनावी ऑनलाइन समूहांच्या माध्यमातल्यान हो ,प्रसार वाढत आशील्याचो गंभीर हुस्को तानी उक्तायलो- 21 जून दिसा जावपी नीट (यूजी) 2026 च्या परिक्षेच्या फाटभुंयेर हि बसका महत्वाची आसा .

मतदान

अस्तंत बंगालांत आयज दक्षिण 24 परगना जिल्ह्यांतल्या 'फाल्टा' विधानसभा मतदारसंघांत फेरमतदान जाता. सकाळीं 7 वरांचेर मतदान सुरू जालें आनी सांजवेळा 6 वरांचेर मतदान सोपतलें. हे वेंचणुके खातीर दोन अपक्ष उमेदवार सयत वट्ट स उमेदवार वेचणूक मळार आसात. तृणमूल काँग्रेसीचो उमेदवार जहांगीर खान हाणें हे वेंचणुकेंत लढो दिवचो ना अशें जाहीर केलां. पूण उमेदवारी फाटीं घेवपाची मुजत पयलींच सोंपिल्ल्यान मतपत्रिकेंत ताचें नांव औपचारीकपणान उरलां.भाजपाचो उमेदवार देवंशु पांडा तर काँग्रेसीन अब्दुर रज्जाक मोल्लाक उमेदवारी दिल्या जाल्यार सीपीआय(एम)न शंभूनाथ कुर्मीक उमेदवारी दिल्या

गडकरी

केंद्रीय रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी हांणी काल नवी दिल्लींत जाल्ले उंचेल्या पांवड्यावेले बसकेंत आसामांतल्या 4 हजार किमी परस चड राष्ट्रीय म्हामार्ग प्रकल्पांच्या दर्ज्याची आनी देखरेखीच्या प्रगतीचो नियाळ घेतलो. बसके वेळार ताणी प्रकल्पांचो टिकाऊपणा आणि रस्त्यांवेल्या प्रवासाचो अनुभव सुधारपाक, प्रत्यक्ष कामाच्या अंमलबजावणीलाक गती दिवप, गुणवत्तेर देखरेख दवरपि यंत्रणा अधिक बळकट करप आणि आधुनिक बांधकाम पद्धतींचो अवलंब करप आवश्यक असल्याचे अधोरेखित केले. तशेंच म्हत्वाच्या हायवे कॉरिडोरांचे कामांत आडमेळीं उणीं करपा खातीर आनी प्रवाशांची सुरक्षीतताय सुनिश्चीत करपा खातीर पावसाच्या हंगामा खातीर अद्ययावत तयारी करपाचे निर्देश तांणी दिले.

भारत-नॉर्डिक

तिसऱ्या भारत-नॉर्डिक शिखर परिषदे उपरांत  प्रसिद्ध जाल्या संयुक्त निवेदनात भारत आणि  नॉर्डिक देशांच्या सामायिक उद्दिष्टांची आणि दृष्टिकोनाची क्षेत्रां मांडली. हाचे वरवि भारत-नॉर्डिक संबंधाक 'हरित तंत्रज्ञान आणि नवोन्मेष सामरिक भागीदारी"च्या स्तरार व्हरपाचो निर्णय घेतला.  ओस्लो दौऱ्यावेळार जाल्या बहुपक्षीय आणि द्विपक्षीय चर्चांनी प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदींनी हरित संक्रमण, नील अर्थव्यवस्था, जहाजबांधणी, भलायकी आणि संरक्षण यांसारख्या क्षेत्रांमदी नॉर्डिक गुंतवणुकी खातीर आमंत्रित केले.

भारत-युरोपियन युनियन मुक्त व्यापार कबतात (FTA) आणि टेपा (TEPA) कबलातीच्या फांट भुयेर, त्यांनी नॉर्डिक प्रदेशा वांगडा अधिक मजबूत आर्थिक आणि व्यावसायिक संबंधां खातीर भारताची तीव्र इच्छा व्यक्त केली.

राजनाथ

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह यांनी 'ऑपरेशन सिंदूर' हे भारताच्या एका मजबूत, आत्मविश्वासू आणि सक्षम राष्ट्रा मदी जाल्या परिवर्तनाचो पुरावा म्हणला. दक्षिण कोरियामधल्या भारतीय समुदायाकडे संवाद साधताना संरक्षण मंत्र्यान म्हणले की, हे ऑपरेशन हाचो पुरावो आसा की भारत खंयच्याच स्वरूपातलो दहशतवाद सहन करचोना.  भारत आपल्या 'नो फर्स्ट यूज' धोरणाकडे वचनबद्ध असलो तरी, तो खंयच्याच प्रकारची आण्विक धमकी सहन करचोना.  सिंह यांनी संरक्षण उत्पादनात आत्मनिर्भरता मेळोवपाच्या सरकारच्या वचनबद्धतेचो पुनरुच्चार केलो. मंत्र्यांनी ठामपणान सांगले की, भारत आता जगाक उपाययोजना दिवपी एक जागतिक शक्त म्हणून उदेंता, जे फाटल्या दशकात देशात जाल्या परिवर्तनाचे प्रतिबिंब आसा.

नड्डा

केंद्रीय भलायकी मंत्री जगत प्रकाश नड्डा हाणी बायला, भुरगी आणि किशोरवयीन चले चलयाच्या भलायकी खातीरच्या जागतिक अजेंड्याक मुख्वार व्हरपाक भारताची दृढ वचनबद्धता परत एकदा व्यक्त केली . नड्डा यांनी जिनिव्हात आयोजित ७९ व्या जागतिक भलायकी परिषदेच्या निमित्तान, 'पार्टनरशिप फॉर मॅटर्नल, न्यूबॉर्न अँड चाइल्ड हेल्थ' (PMNCH) ची बोर्ड अध्यक्ष हेलन क्लार्क वांगडा द्विपक्षीय बसका घेतली. या बसके वेळार मंत्र्यांनी बोर्डाचे उपाध्यक्ष आणि स्थायी समितीचे अध्यक्ष म्हणून PMNCH त भारताच्या सक्रिय नेतृत्वाची भूमिका अधोरेखित केली. नड्डा यांनी हेय अधोरेखित केले की, २०१४ त किशोरवयीन चले चलयांक एक समर्पित राष्ट्रीय कार्यक्रम सुरू करपी पयल्या काय देशांपैकी भारत एक आसा. या कार्यक्रमा वरवी देशभरात भलायकी सुविधा, शाळा आणि समुदाय-आधारित उपक्रमां वरवी तरुणां मेरेन पावतात .

Announcement

आकाशवाणी पणजी 'कॅज्युअल असाइनीज', न्यूज रीडर-कम- ट्रान्सलेटर ह्या पदा खातीर तात्पुरत्या कराराचेर अर्ज मागयता. पदवीधर पीराय 21 ते 50 वर्सां मजगतीं कोंकणी भाशेचें बरें गिन्यान अणकार करपाचें कसब आनी प्रसारणाखातीर योग्य आवाज आसपाक जाय. उमेदवारांनी ठरयील्ली फी भरून ताची पावती जोडून head ऑफ rnu खबरा विभाग अल्तीन Panaji हांगा धाडची निमणी तारीख आसा 1 जून .

च्या दीस

आयज आंतरराष्ट्रीय च्या दीस, संवसारभर मनयतात. हो दीस संयुक्त राश्ट्रांच्या अन्न आनी शेतकी संघटणे वरवि मनयतात. च्याचें सांस्कृतीक दायज, ताचे

भलायकेचे फायदे आनी ताचें अर्थीक म्हत्व मनोवपाची ही एक बरी संद. अंदूंचो विशय Sustaining Tea, Supporting Communities आसा

स्पोर्ट्स

आयपीएल क्रिकेटत काल राती कोलकाता नाईट रायडर्सन मुंबई इंडियन्सचो ४ गडे राखून पराभव केलो आयचे मॅचींत गुजरात टायटन्स आनी चेन्नई सुपर किंग्स हांचे मदीं अहमदाबादच्या नरेंद्र मोदी स्टेडियमात सांजवेळा 7:30 वरांचेर खेळ जातलो.

काल मध्य प्रदेशांतल्या भोपाळांतल्या 'उद्धव दास मेहता (भाय जी) सेंट्रल साई सेंटरांत' जाल्ल्या मालिकेच्या चवथ्या आनी निमाण्या मॅचींत भारतीय 18 वर्सा सकयल्या दादल्यांच्या हॉकी पंगडान ऑस्ट्रेलिये आड 3-3 अशी बरोबरी केली. हाचे वांगडाच भारतीय पंगडान ऑस्ट्रेलिये आड चार मॅचींची मालिका एक जैत, दोन बरोबरी आनी एक हार करून पुराय केली.

हवामान

भारतीय हवामान खात्यान आयज दिल्ली, हरियाणा, आनी चंडीगढत कांय सुवातींनी उश्णतायेच्या ल्हारांचो अदमास उक्तायला आनी orange जारी केला . मध्य प्रदेश, पंजाब, उत्तर प्रदेश आनी विदर्भा, बिहार, छत्तीसगड, आंध्र प्रदेश, हिमाचल प्रदेश, ओडिशा, राजस्थान, तेलंगना आनी उत्तराखंड ह्या वाठारांनीय उश्णतायेच्या ल्हारांची परिस्थिती येवपाची शक्यताय आसा. 20 मे ते 21 मे मेरेन गोंया खातीर हळडुवो इशारो जारी केला.उत्तर आनी दक्षिण गोंय जिल्ह्यांतल्या कांय सुवातींनी दनपारां उसरां वा सांजवेळार गडगड, वीज आनी 30 ते 40 किमी.वेगान वारे व्हावू येता हवामान खात्यान दिल्ले म्हायती प्रमाण फुडले दोन दीस राज्यांत हल्को ते मध्यम प्रमणात पावस पडपाची शक्यताय आसा